Panaji regional

29 october 2025 at 7.20 pm

मुखेल खबरो

- सरकारी तशेंच आल्वारा जमनीत आशिल्ली घरां लेगीत कायदेशीर करपाचे येत्न जातले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले
- आंतरराष्ट्रीय SaLINITY परिशद 3.0, आयज ICAR–CCARI, पोरन्या गोंयां सुरू जाली.
- 2025-26 वित्तीय वर्सा नुस्तेमारी संचालनालयान वेगवेगळ्या ICAR संस्थांनी नुस्तें पालन करपी, नुस्तेकार, नुस्तें कामगार, नुस्तें विक्रेते हांचे खातीर 5 दिसां खातीर Exposure भेटीचे 6 पंगड घडयल्यात.
- फर्मागुडी P.E.S रवी नाईक कला आनी विज्ञान महाविद्यालय, प्राणीशास्त्र विभागान उच्च माध्यमिक विभागान “लब टू नेचर : अ सायन्टिफिक जर्नी” ह्या नांवान पांच दिसांची शिंयाळी कार्यशाळा घडोवन हाडल्या.

Cm mhaje ghar 55 subhash

सरकारी तशेंच आल्वारा जमनीत आशिल्ली घरां लेगीत कायदेशीर करपाचे येत्न जातले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले. ते आयज काणकोणा 'म्हजें घर ' येवजणेंचे अर्ज वितरीत करपाच्या कार्यावळींत उलयताले. ह्या कार्यावळीक कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर हाजीर आशिल्ले.

तालुका पांवड्यार तशेंच मतदार संघ पांवड्यार म्हजें घर येवजणेंचे काम व्हडा नेटान चालू आसा. मतदारसंघ पांवड्यावेल्या चडश्या कार्यावळींक मुखेलमंत्री हाजीर आसतात.

महेश 120

आंतरराष्ट्रीय SaLINITY परिशद 3.0, WE-CARE 2025 आयज ICAR–CCARI, पोरन्या गोंयां सुरू जाली. ह्या काऱ्यक्रमाचें उक्तावण ICAR, नवी दिल्लीचे उप/महासंचालक डॉ. A.K. Nayak हाणी केले मातयेंतल्या आनी उदकांतल्या खारसाणीक लागून शेतकी उत्पादकता, पर्यावरण यंत्रणा आनी अन्न सुरक्षा, खास करून सुक्या आनी दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी वाडत आशिल्लो धोको आसा अशें डॉ. नायक हाणी सांगले. भारतांतल्या सदूसष्ट लाख हेक्टर जमनी सयत संवसारभर एक अब्ज हेक्टरां वयर जमनीचेर परिणाम जाता अशें तांणी नदरेक हाडलें आनी शेतकी वेवसाय चड टिकावू करपा खातीर विज्ञानाचेर आदारित नवनिर्माणाचे आवाहन केले. सार्क, AARDO, JIRCAS, ICBA आनी हेर देशांतल्या तज्ञांक एकठांय हाडून खारट परिसंस्था **पुनर्संचयित** करपा खातीर आनी फुडली धोरणात्मक शिफारशी तयार करपा खातीर तांणी कर्नाल आनी गोंयांतल्या ICAR संस्थांची तोखणाय केली.हे परिशदेंत **परदेशांतल्यान आनी भारतांतल्यान** सुमार देडशे प्रतिनिधी वांटो घेतात.

Dip 125

2025-26 वित्तीय वर्सा नुस्तेमारी संचालनालयान वेगवेगळ्या ICAR संस्थांनी नुस्तें पालन करपी, नुस्तेकार, नुस्तें कामगार, नुस्तें विक्रेते हांचे खातीर 5 दिसां खातीर Exposure भेटीचे 6 पंगड घडयल्यात. प्रस्तावीत ICAR संस्थांनी ICAR CIFA, भुवनेश्वर, आयसीएआर-CIBA, चेन्नय, आयसीएआर-CIFE, मुंबय, आयसीएआर-CIFT, कोच्ची आनी आयसीएआर-CMFRI, कोची हांचो आस्पाव जाता. ह्या प्रदर्शन भेटीचो विषय कार्प संवर्धनांत रोग आनी भलायकी वेवस्थापन, नुस्त्याचें पोशण आनी खावड वेवस्थापन, खाऱ्या उदकाचें जलसंवर्धन, खाऱ्या उदकाचें जलसंवर्धन तंत्रज्ञान, उत्तम वेवस्थापन पद्दती, एकत्रीत जलसंवर्धन एकत्रीत बहु-उपचार जलसंवर्धन, नुस्तें प्रक्रिया, कोयर आनी उप/उत्पादनांचो वापर आनी,

दर्यासंवर्धन तंत्रज्ञानाचेर वेव्हारीक प्रशिक्षण कार्यावळ आसा. इत्सूक नुस्तेंकार, नुस्तें कामगार, नुस्तें विकपी , मुखेल कार्यालय, नुस्तेमारी संचालनालय, पणजी वा लार्गीच्या विभागीय कार्यालयांक वा नुस्तेकार प्रशिक्षण केंद्र, पोरन्या गोंयांत चवकशी खातीर भेट दिवंक शकतात आनी संबंदीत कार्यालयांतल्यान वेवस्थीत भरिल्लो अर्ज फॉर्म सादर करूंक शकतात. अर्ज स्वीकारपाची निमाणी तारीक 7 नोव्हेंबर 2025 आसा .

Pm Aryan 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 31 तारखेक दनपारां 2:45 वरांचेर नवी दिल्लींत जावपी आंतरराष्ट्रीय आर्यन शिखर सभेंत वांटो घेतले आणि उपस्थितांक संबोधित करतले महर्षी दयानंद सरस्वती हांच्या २००व्या जल्मदीस आनी आर्य समाजाच्या समाजसेवेच्या १५० वर्सांचो उगडास करपी ज्ञान ज्योती महोत्सवाचो हो कार्यक्रम एक मुखेल भाग. तशेंच ह्या शिखर सभेंत “150 Golden Years of Service” हें विषयाचेर प्रदर्शन आसतलें, जें आर्य समाजान शिक्षण, समाजीक सुदारणा, आनी आध्यात्मिक उदरगतींतल्या योगदानांतल्यान परिवर्तनकारी प्रवास दाखोवन दितले.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रवेल्यान एकतात

आता मुखवेलयो खबरो

Pes subhash 120

फर्मागुडी P.E.S रवी नाईक कला आनी विज्ञान महाविद्यालय, प्राणीशास्त्र विभागान उच्च माध्यमिक विभागान “लब्ब टू नेचर : अ सायन्टिफिक जर्नी” ह्या

नांवान पांच दिसांची शिंयाळी कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. प्राणीशास्त्र खातें, गोवा राज्य संशोधन फावंडेशन (GSRF) हांच्या सहकार्यान ही कार्यशाळा जातली. ११ ते १५ नोव्हेंबर मेरेन हाचे खातीर नोंदणी करप आवश्यक आसा.

वर्गांतल्या शिकपाक, प्रयोगशाळेंतल्या आनी शेतकी अणभवांक जोडप असो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा, उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यांक प्रत्यक्ष निरिक्षण, प्रयोग आनी संशोधना वरवीं प्राणीशास्त्र आनी सैमीक शास्त्राच्या आकर्शक संवसाराचो सोद घेवपाची प्रेरणा दिवप अशोय गजाली हांतूतल्यान जावपाक शकता. इकरावेच्या विज्ञान फाट्याच्या विद्यार्थ्यां खातीर ही कार्यशाळा उक्ती आसा. दरेक उच्च माध्यमीक शाळेंतल्यान पांच विद्यार्थी नामांकन घेवपाक शकतात. फर्मागुडी.पी.ई.एस. विज्ञान महाविद्यालयाच्या "लब टू नेचर : अ सायन्टिफिक जर्नी" ह्या कार्यशाळेखातीर नोंदणी करपाची निमणी तारीख 5 नोव्हेंबर 2025 अशी आसा.

Sahitya sammelan Sushant 120

केरळ राज्यांत जावपी अखील भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाचे येवकार अध्यक्ष म्हूण T.R सदानंद भट हांची एकमतान निवड जाल्या. आयतारा 26 ऑक्टोबराक जाल्ले आयोजन समितीचे बसकेंत हो निर्णय घेतला. आनंद जी. कामत हे संमेलनाचे कार्याध्यक्ष आसतले जाल्यार टी सरथ कुमार हे सरचिटणीस म्हूण बिन/विरोध वेंचून आयल्यात. अखिल भारतीय कोंकणी परिशद 22 आनी 23 नोव्हेंबर 2025 ह्या दिसा जातli . ह्या अधिवेशनाक गोंयांतले 300, कर्नाटकांतले 100 आनी केरळ आनी महाराष्ट्रांतले 400 प्रतिनिधी हाजीर रावपाची अपेक्षा आसा. विद्यार्थी प्रतिनिधींखातीर 100 रुपया, सर्वसादारण राबित्याचे वेवस्थे खातीर 1000 रुपया, खाशेल्या राबित्याचे वेवस्थे खातीर 3500 रुपया आनी रावपाची गरज नाशिल्ल्यांक 500 रुपया फारीक करचे पडटले. केरळांतले कोंकणी कार्यकर्ते हें अधिवेशन येसस्वी करपा खातीर नेटान तयारी करतात, अशे वावुरपी समितीन कळीत केला.

Nadda 75

संवसारीक स्ट्रोक दिसा निमतान केंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी सांगलां की हो दीस स्ट्रोक आडावपा विशीं आनी निरोगी जिणे पद्दतीचें म्हत्व हांचे विशीं जागृताय करपाची संद दिता. सोशल मिडिया पोस्टांत नड्डा हांणी सांगलें की, स्ट्रोक अचकीत जावंक शकतात, पूण जायते लहान, सातत्यपूर्ण, निरोगी निवडींवरवीं ताका टाळपाक मेळटात. योग्य जेवण, सक्रिय रावून आनी ताण वेवस्थापन करून मनीस धोको उणो करून निरोगी जिणं जियेवंक शकता अशें तांणी सांगलें. नड्डा हांणी लोकांक हो दिस भलायकी विशी शिकपाखातीर भलायकेक सर्वोच्च प्राधान्य दिवपाक आवाहन करता अशे म्हणले

Sports 110

सुपर कप फुटबॉल सर्तींत मंगळारा दोन रोमांचक खेळ जाले , ईस्ट बंगालान चेन्नयिन एफसीचेर जैत मेळयलें, जाल्यार डेम्पो SC आणि मोहन बागान हांचे मदि बरोबरी जाली .कालच्या पयल्या मॅचींत ईस्ट बंगालान 2025-26 AIFF सुपर कपांत आपले पयलो जैत मेळयलें, कारण तांणी GMC अॅथलेटिक स्टेडियम बांबोळे हांगा जाल्ल्या गट अ च्या खेळांत चेन्नयीन एफसीचेर 4 आड 0 अशी हार घाली. ह्या निकालाक लागून सलग दोन पराभावाउपरांत चेन्नयीन FC सर्तींतल्यान भायर पडले .सांजवेळा Pandit Jawahar Lal Nehru stadium, Fatorda हांगा जाल्ल्या अ गटाच्या दुसऱ्या मॅचींत डेम्पो स्पोर्ट्स क्लबान भारतीय सुपर लीग चॅम्पियन मोहन बागन सुपर जायंट आड गोल विरयत बरोबरी केली .आयज दोन मॅची आसात , पयली मॅच जमशेदपूर आणि नॉर्थ ईस्ट युनाइटेड मदी जाल्यार दुसरी मॅच एफसी goa आनी इंटर काशी पंगडां मदी जातली

IMD 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २3.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता .वारे वराक 35 ते 45किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 55 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

Aani आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- सरकारी तशेंच आल्वारा जमनीत आशिल्ली घरां लेगीत कायदेशीर करपाचे येत्न जातले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले
- आंतरराष्ट्रीय SaLINITY परिशद 3.0, आयज ICAR–CCARI, पोरन्या गोंयां सुरू जाली.
- 2025-26 वित्तीय वर्सा नुस्तेमारी संचालनालयान वेगवेगळ्या ICAR संस्थांनी नुस्तें पालन करपी, नुस्तेकार, नुस्तें कामगार, नुस्तें विक्रेते हांचे खातीर 5 दिसां खातीर Exposure भेटीचे 6 पंगड घडयल्यात.

आनी इतल्यान हयो pradeshik खबरो सोपलयो आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले pradeshik khabrapatr तुमका aykunk मळतले faalya sakaali saat vraa panchvis मिंटनचेर नमस्कार